5th June 2026

8.40am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरात आनी दमनाक भेट दितले. रस्तो, वीज आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्यान २१ हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे, प्रधानमंत्री लोकार्पण करतले.
2. 'संवसारीक योगासन चॅम्पियनशिपांत' वांटो घेवपी खेळगड्यांक, आयुष मंत्रालयाच्या 'योग 365' ह्या मोहिमेचे राजदूत जावपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला.
3. भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज आपले द्विमासिक पतधोरण जाहीर करतली.
4. लोकसभेचे आदले महा सचिव आनी संविधान तज्ञ, सुभाष सी. कश्यप काल नवी दिल्लींत संवसाराक अंतरले.
5. जपानात जावपी १८-वर्सा पिराय सकयल्ल्या, आशिया चषक हॉकी सर्तीच्या उपांत्य फेरीयेत भारत, पाकिस्ताना आड खेळतलो.

पीएम दमन गुजरात

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरात आनी दमनाक भेट दितले. सुरातांत रस्तो, वीज आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्यान 18 हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे प्रधानमंत्री लोकार्पण करतले आनी बुन्याद घालतले. तशेंच प्रधानमंत्री मोदी सुरतांत 200 खाटींच्या ई.एस.आय.सी हॉस्पिटलाचें उक्तावण करतले. तशेंच गुजरात सरकाराच्या जायत्या म्हत्वाच्या उपक्रमांचें प्रधानमंत्री उक्तावण करतले, तातूंत आधुनीक वीज वितरणांत सुदारणा, दहेज पेट्रोलियमांत बरी सांडपाणी विल्हेवाट आनी प्रक्रिया मुळावी बांदावळ ह्या सुविधांचो आस्पाव जाता. उपरांत, सांजे प्रधानमंत्री मोदी दमनांत वचून सुमार २ हजार 970 कोटी रुपयांच्या उदरगतीच्या प्रकल्पांची बुन्याद घालतले. भलायकी जतनाय, नागरी विमानन, पर्यटन, मुळावी बांदावळ, जोडणी आनी भौशीक कल्याण ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी हे प्रकल्प पातळ्ळयात.

## पीएम योगासन

'संवसारीक योगासन चॅम्पियनशिपांत' वांटो घेवपी खेळगड्यांक, आपल्या मूळ देशांत परत येतकच, आयुष मंत्रालयाच्या 'योग 365' ह्या मोहिमेचे जागतीक राजदूत जावपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला. अहमदाबादांत जाल्ल्या चॅम्पियनशिपाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि आयुश मंत्रालयान योगात वर्सभर वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी समाजांत बऱ्या भलायकि पद्दतीक चालना दिवपा खातीर, 'योग 365' हि मोहीम सुरू केल्या. संवसारभरांतल्या खेळगड्यांनी चॅम्पियनशिपा भायर, योगा विशीं जागृताय पातळावपाक मदत करची, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

## भारतीय रिझर्व्ह बँक

भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज आपले द्विमासिक पतधोरण जाहीर करतली. रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा आयज मुंबयत सकाळी १० वरांचेर पतधोरण समितीचे निर्णय जाहीर करतले. ६ वांगड्यांच्या समितीन बुधवारा आपल्या तीन दिसांच्या चर्चेक सुरुवात केल्ली. एप्रिल म्हयन्यात, भारतीय रिझर्व्ह बँकेन आपल्या मुखेल धोरणात्मक दरात कसलोच बदल करुंक नाशिल्लो.

## सुभाष काश्यप

लोकसभेचे आदले सरचिटणीस आनी घटनात्मक तज्ञ सुभाष सी. कश्यप हे बरोच तेंप दुयेंस आशिल्ल्यान, काल नवी दिल्लींत संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 97 वर्सा आशिल्ली. एकाच वेळार जावपी वेंचणुके विशीं कायदेशीर चौकटी तयार करपा खातीर, आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ले उचेल्या पांवड्यावेले समितीत डॉ. कश्यप आशिल्ले. शंबरांवयर पुस्तकांचे लेखक, १९८३ ते १९९० मेरेन

लोकसभेचे सरचिटणीस म्हणून ताणें काम केलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तांच्या मरणाचेर दुख उक्तायला.

## S Jaishankar Venezuela

विदेश वेवहार मंत्री एस. जयशंकर हांणी काल सकाळीं नवी दिल्लींत व्हॅनेझुएलाच्यो प्रभारी राष्ट्रपती डेल्सी रॉड्रिगीसा हांचे कडेन संपर्क सादलो. भारत - व्हॅनेझुएला संबंदा कडेन बऱ्याच काळासावन आशिल्ल्या वचनबद्धतेक भारत म्हत्व दिता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन जाल्ले बसकेक लागून, दोनूय राश्ट्रां मदले सहकार्य आनीक घटमूट जातले, अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ. जयशंकर हांणी सांगलें.

## संवसारीक पर्यावरण दिस

आयज संवसारीक पर्यावरण दिस मनयतात. धरतरेवेली जीवसृष्टी तिगोवन दवरपाक जागरूकताय निर्माण करपाखातीर, संयुक्त राष्ट्र पर्यावरण कार्यावळ १९७३ सावन दरवर्सा, ५ जूनाक हो दिस मनयतात. संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान, केंद्रीय पर्यावरण, राना आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव आनी राज्य मंत्री कीर्ति वर्धन सिंग, 'एक पेड माँ के नाम' ह्या मोहिमे खाला राष्ट्रीय राजधानीच्या मैदान-गढी हांगाच्या नमो ऑक्सिजन पार्कांत, झाडां रोवपाच्या कार्यावळींत वांटो घेतले. राज्य पांवड्यार संवसारीक पर्यावरण दिसाच्या कार्यावळींनी कितलेशेच केंद्रीय मंत्री, मुख्यमंत्री, मंत्री, खासदार,आमदार, वांटो घेतले. हो दीस जागृताय, कृती आनी पर्यावरण टिकावूपणाक, चालना दिता.

## नेपाळ परराश्ट्र मंत्री

भारताचे विदेश वेव्हार मंत्री डॉ जयशंकर हांच्या आमंत्रणावेल्यान, नेपाळाचे परराश्ट्र मंत्री शिसिर खनाल 5 ते 7 जून मेरेन भारत भेटेर येतले. हे भेटी वेळार, मंत्री खनाल नवी दिल्लींत डॉ. जयशंकर हांचे कडेन औपचारीक बसका घेतले. वेपार, गुंतवणूक,

जोडणी, उर्जा आनी लोकां मदीं संबंद अशा मुखेल वाठारांनी सहकार्य वाडोवपाच्या हेतान, दोनूय वटांनी परस्पर हिताच्या गजालींचेर चर्चा करतले, अशें नेपाळ विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

PM ADVISOR

1987 बॅचांतले निवृत्त आयएएस अधिकारी तरुण कपूर हाका, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे सल्लागार म्हणून, एक वर्स वाडोवपाक मंत्रीमंडळाचे नेमणूक समितीन मान्यताय दिल्या. कपूर हांचो प्रधानमंत्री कार्यालयांतलो वाडिल्लो काळ, ह्या म्हयन्याच्या 10 तारखे सावन आनीक एक वर्सा खातीर लागू जातलो, अशी म्हायती कार्मिक आनी प्रशिक्षण खात्यान दिल्या.

सूर संगम

आकाशवाणी पणजी केंद्रा वरवी मेकनिझ पॅलेसच्या सभाघारांत 5 जुनाक सांज्ये 4.३० वरांचेर सूरसंगम हि संगीत आनी पारंपारिक नृत्याची कार्यावळ आयोजित केल्या. ह्या कार्यावळीन हिंदुस्थानी शास्त्रीय गायक डॉ. प्रवीण गावकर आपली कला सदर करतले. माशेलच्या छत्रपती कला आनी सांस्कृतीक मांडळावरवी फुगडी सादर जातली. राया सासष्टी हांगच्या एड्रियन सिक्वेरा हांची कातारांची कार्यावळ जातली. रसिकांनी कार्यावळीचो आनंद घेवचो, अश्ये आकाशवाणीन कळीत केला.

बॅडमिंटन

जकार्तात सुरू आशिल्ल्या इंडोनेशिया ओपन बॅडमिंटन सर्तीत, भारताच्या एम.आर. अर्जुन आनी हरिहरन अमसा-करुनन हांणी उपांत्यपूर्व फेरीयेत पावल घाले. दादल्यांच्या दोट्टी गटात काल ह्या भारतीय जोडीयेन, मलेशियाच्या एरॉन ताई आनी कँग खाई-जिंग हांचेर जैत जोडले.

SAFF

गोंयात मडगावात जावपी बायलांच्या SAFF फुटबॉल सर्तीत निमण्या फेरीयेत भारत बांगलादेश पंगडाआड खेळतलो. हो खेळ सांजे ६:३०क जातलो. तेआदी, उपांत्य फेरीयेत भूतानाक १-० अशें हारोवन भारतान निमण्या फेरीयेत पावल घाल्ले. भारतान आतामेरेन हे सर्तीत पाच फावट वस्तादपण मेळयल्या.

हॉकी

जपानातल्या काका - मिगाहारा हॉकी स्टेडियमात, आयज दादल्यांच्या १८-वर्सां पिराय सकयल्ल्या आशिया चषक हॉकी सर्तीच्या उपांत्य फेरीयेत, भारत  पाकिस्तान पंगडा आड खेळतलो. 'पूल ए' गटात ९ गुणांसयत दुसरी सूवात मेळोवन, भारतान उपांत्य फेरीयेत पावल घाले. येजमान जपान आड, भारताक एकूच हार खावची पडली, पूण उपरांत, भारतीय पंगडान गट फेरीयेच्या निमण्या खेळात, 'चायनीज तैपेईचेर १३ आड १ अशे दणदणीत जैत जोडले. बायलांच्या १८-वर्सां पिराय सकयल्ल्या आशिया चषक सर्तीत, गट फेरीयेत भारतान उपांत्य फेरीयेत पावल घाला. आयज सकाळी ९.३० वरांचेर भारत, चीन पंगडा आड खेळतलो.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, मध्य प्रदेश, ओडिशा, राजस्थान, आनी उत्तर प्रदेशात गडगडा सयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला. तेखातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. दर्यादेगेवेले कर्नाटक, केरळ आनी माहे, आनी तमिळनाडू, पुद्दूचेरी आनी करायकलात उटंगाराच्या पावची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. ईशान्य भारत, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, त्रिपुरा, आंध्र प्रदेश ह्या वाठारांनीय आयज पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरात आनी दमनाक भेट दितले. रस्तो, वीज आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्यान २१ हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे, प्रधानमंत्री लोकार्पण करतले.
2. ‘संवसारीक योगासन चॅम्पियनशिपांत’ वांटो घेवपी खेळगड्यांक, आयुष मंत्रालयाच्या ‘योग 365’ ह्या मोहिमेचे राजदूत जावपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला.
3. भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज आपले द्विमासिक पतधोरण जाहीर करतली.
4. लोकसभेचे आदले महा सचिव आनी संविधान तज्ञ, सुभाष सी. कश्यप काल नवी दिल्लींत संवसाराक अंतरले.
5. जपानात जावपी १८-वर्सा पिराय सकयल्ल्या, आशिया चषक हॉकी सर्तीच्या उपांत्य फेरीयेत भारत, पाकिस्ताना आड खेळतलो.